**Panaji National**

**1 May 2026 6.30PM**

PM Modi ( 60)

मध्य प्रदेशांतल्या जबलपूरांत बोट पलटून लोकांक मरण आयलें. या दुःखद घटनेचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी दुख्ख उक्तायलां. सोशल मिडियाचेर केलेल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी थळावें प्रशासन बळी पडपी लोकांक मजत करता अशी म्हायती दिल्या. हे वांगडा प्रधानमंत्री राष्ट्रीय मजत निधींतल्यान दरेकल्या मेल्ल्या मनशाच्या कुटुंबांक दरेकीं 2 लाख रुपया अनुदान, जाल्यार जखमी जाल्ले लोकांक पन्नास हजार रुपया दिवपाची घोशणा प्रधानमंत्र्यानी केल्या.

Amit Shah (66)

बुध्द पोर्णिमाच्या खास निमतान केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज लेहांतल्या जीवात्सलांत भगवान बुध्दाच्या पवित्र अवशेशांच्या प्रदर्शनाचें उक्तावण केलें. बुध्दपोर्णिमीच्या निमतान लद्दाखांतल्या लोकांक शुभेच्छा दितना घरमंत्री शाहा हांणी 75 वर्सां उपरांत लद्दाखांत हे पवित्र अवशेश आयल्यात हाचेर भर दिताना सांगलें...

देशांत प्रदर्शना खातीर हे पवित्र अवशेश भायर काडपाची ही पयलीच खेपे. बुध्दाच्या पवित्र अवशेशांचें हें दैवी प्रदर्शन आयज सावन 14 मे मेरेन लद्दाखांत सुरु आसतलें.

Mansukh Maandviya (39)

केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री मनसुख मांडवीया हांणी आयज संवसारीक कामगार दिसा निमतांन देशांतल्या सगळ्या कामगारांक परबी भेटायल्या. प्रधानमंत्री मोदी हांच्या फुडारपणाखाला सरकार कामगारांच्या भौमाना खातीर, सुरक्षितताये खातीर, हक्कां खातीर आणि समाजकल्याणाखातीर प्राधान्य दिवन वावरता अशें मंत्री मांडवीया हांणी सांगलें.

West Bengal (60)

स्ट्रॉग रूमांचेर 24 वरां सीसीटीव्ही पळोवणी दवरला आनी म्हणून मतमेजणी केंद्रांनी कसलोच गैरवेव्हार जावपाक वाव ना अशें अस्तंत बंगालचे मुखेल वेंचणूक अधिकारी मनोज अग्रवाल हांणी स्पश्ट केलें. अग्रवाल आयज कोलकातान पत्रकारां कडेन उलयताले. बंगालची मुखेलमंत्री ममता बॅनर्जी हांणी मतमेजणी केंद्रांचेर छेडछाड केल्ल्याचे आरोप  केल्ले, हें आरोप निराधार असल्याचें अग्रवाल हांणी सांगलां. अस्तंत बांगलातल्या विधानसभा वेंचणुके खातीर सोमारा मतांची मेजणी जातली.

IFFI ( 36)

गोंयांत जावपी आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या 57व्या आवृत्ती खातीर नामनेचे चित्रपट निर्माते आशुतोष गोवारीकर हाची महोत्सव संचालक म्हणून नेमणूक जाल्या. ह्या प्रतिश्ठीत महोत्सवाचो महोत्सवाचे संचालक म्हूण काम करप ही अभिमानाची आनी खोशीची गजाल अशें गोवारीकार हांणी सांगलें.

UPI (55)

युनिफायड पेमेंट्स इंटरफेस (यूपीआय) हो संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो रियल-टायम पेमेंट प्लॅटफॉर्म म्हूण उदेला. 11 एप्रील 2016 क सुरू जाल्लो यूपीआय आयज भारताच्या डिजिटल अर्थवेवस्थेचो कणो म्हणून उबो आसा. पयल्या म्हयन्यांत फकत 373 वेव्हार केलल्या ह्या प्लॅटफॉर्मान 2025-26 वित्तीय वर्सा सुमार 24,162 कोटी रुपयांचे वेव्हार प्रक्रिया केल्यात.

Announcement ( 82)

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा  खबरा विभागा वरवी  'वृत्तनिवेदकाच्या' पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज  करपाक निमणी तारीख 17 मे  २०२६ आसा . ह्या पदाखातीर कोंकणी भाशेचें  गिन्यान आसचें. इत्सूक

उमेदवारांनी आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा  हांगा सादर करचो.

Weather (85)

नागालँड, मणीपुर, मिजोरम, त्रिपुरा, अस्तंत बंगाल, आनी सिक्कीमांत फाल्या नेटान पावस पडपाची शक्यताय आसा अशे भारतीय हवामान खात्यान सांगला. आसाम आनी मेघालयांत येता ते फुडले दोन ते तीन दिस उटंगाराचो पावस पडू येता असो भारतीय हवामान खात्याचो अदमास आसा. फाल्या खातीर वादळ वाऱ्याखातीर बिहारांत ऑरेंज अलर्ट शिटकावणी दिल्या.

इतले मजगती, अस्तंत राजस्थानांत येता ते फुडले दोन दिस उष्णतायेचे वातावरण आसतले अशे भारतीय हवामान खात्यान सांगला.

तशेच, आंध्र प्रदेश, तमिळ नाडू, पुददूचेरी आनी करायकलात फाल्या गरमी आनी दमटीचे वातावरण आसतले असो भारतीय हवामान खात्याचो अदमास आसा.

आयपीएल 28

आयपीएल टी-20 क्रिकेट खेळात आयज राजस्थान रॉयल्स पंगडाचो खेळ दिल्ली केपीटल्स पंगडा आड जातलो. हो खेळ जयपुरांत सवाई मानसिंग स्टेडीअमांत जातलो. खेळ आयज सांजवेळार 7:30 वरांचेर सुरु जातलो.